देवश्री कामत  राष्ट्रीय खबरो २३.10.२०२५ @ 8.40 am

नमस्कार आकाशवाणी पणजी प्रादेशिक कबरा विभागा वरवी dk तुमका राष्ट्रीय खबरो दीत.

हयो आसात काय मुखेल खबरो

१ आज सावन संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग जयसलमेराक तीन दिसांच्या भेटीर वतात

२ विधानसभा वेंचणुकेच्या पयल्या टप्प्या खातीर बिहारांत वेंचणुकेच्या प्रचाराक गती आयल्या.

3 आयज भावू बीजीचो उत्सव मनयतात जो  दिवाळे उपरांत येता आनी पांच दिसांच्या उत्सवाचो शेवट जाता

4 तिसऱ्या आशियाई युवा  कबडडी खेळां सर्तीच्या चल्यांच्या गट अ मॅचींत भारतान यजमान बहरीनाचेर  chavryayshi आड 40 अशी हार  घाली

आता पुराय खबरो

राजनाथ १२०

आज सावन संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग जयसलमेराक तीन दिसांच्या भेटीर वतात, थंय ते ऑपरेशन सिंदूर उपरांत शहरात जावपी आर्मी कमांडर्स कॉन्फरन्सत सहभागी जातले. लष्कराचे वरिष्ठ नेतृत्व, ऑपरेशनल तयारीचो  आढावो  घेव्पाक आणि फुडारातल्या   सुरक्षा आव्हानांर चर्चा करपाक  एकठांय येत आशिल्यान या भेटीक  धोरणात्मक महत्त्व आसा. संरक्षण सूत्रांनी दिल्ले म्हायती प्रमाण हे परिशदेंत लश्करी मुखेली आनी वरिश्ठ कमांडर  एकठांय येवन भारताचे अस्तंत शिमेवेली  शिम सुरक्षा, आधुनीक झुजाची रणनिती आनी संरक्षण कारवायांतल्या तंत्रीक उदरगतीचेर चर्चा करतले. आपल्या भेटीच्या दुसऱ्या दिसा राजनाथ सिंग लॉंगेवाला सीमा चौकीक  भेट दितले  आनी थंय एकोणीशेएकयत्तर   वर्साच्या

**भारत-पाक झुजांत शहीद जाल्ल्या सैनिकांक श्रद्धांजली ओपतले. लश्करी झुजाच्या संग्रहालयाकुय ते भेट दितले , 'शौर्य पार्क' आनी कॅक्टस पार्काचें लोकार्पण  करतले आनी लश्कराच्या शौर्य आनी गौरवशाली इतिहासाचें चित्रण करपी नवो 'लायट अँड साउंड शो' लाँच करतले**

## वेच्णूक 130

विधानसभा वेंचणुकेच्या पयल्या टप्प्या खातीर बिहारांत वेंचणुकेच्या प्रचाराक गती आयल्या. JDUचे अध्यक्ष आनी मुख्यमंत्री नीतीश कुमार आनी भाजपाचे वरिश्ठ फुडारी एनडीए उमेदवारांक तेंको दिवपाक प्रचार करतात. 6 नोव्हेंबराक 18 जिल्हयांतल्या 121 विधानसभा मतदारसंघांनी मतदान जातलें. आयज एनडीएचे जायते फुडारी युतीच्या  उमेदवारांक तेंको दिवन प्रचार करतले. भाजपाचे राष्ट्रीय अध्यक्ष जे.पी. नड्डा औरंगाबादातल्या  गोह आणि वैशाली जिल्हयात पाटेपूर हांगा निवडणूक सभांनी उलोवप करतले. भाजपाचे वरिश्ठ फुडारी आनी केंद्रीय मंत्री गिरिराज सिंग, राजभूषण चौधरी वांगडा भोजपूरांतल्या शाहपूरांत वेंचणुकेच्या रॅलींत उलोवप करतले. तशेंच पक्षाचे वेंचणुकेचे सह-प्रभारी आनी उत्तर प्रदेशाचे उपमुख्यमंत्री केशव प्रसाद मौर्य एनडीए उमेदवारांक तेंको दिवक  प्रचार करतले. मजगतीं, राष्ट्रीय जनता दल आनी काँग्रेस हांच्या फुडारपणा खाला महाआघाडी आयज आपली संयुक्त रणनिती आनी प्रचार कार्यावळ जाहीर करपाची शक्यताय आसा. पुराय युती एकवटीत आसा आनी एकठांय प्रचार करतले अशें काँग्रेसीचे बिहार प्रभारी कृष्णा अल्लावरू हांणी सांगलें.

## NHAI 90

राष्ट्रीय महामार्ग प्राधिकरण (NHAI) राष्ट्रीय महामार्गांच्या पट्ट्यांमधल्या रस्त्यांची वळेरी आणि फुटपाथ स्थिती डेटा एकठाय करपाक, प्रक्रिया करपाक आणि विश्लेषण करुक 20 हजार 933 किलोमीटर  व्याप्तीच्या 23 राज्यांनी नेटवर्क सर्वेक्षण वाहना तैनात करतले. रस्ते येरादारी आणि महामार्ग मंत्रालयान माहिती दिली की NSVs तैनात केल्यान NHAI रस्त्यांची वळेरी आणि फुटपाथ स्थिती कडे संबंधित आवश्यक डेटा एकठाय करपाक शकतले, जातुन पृष्ठभागावेल्यो चीर, खड्डे आणि पॅच यासारख्या सगळ्या संबंधित रस्त्यांच्या दोषांचो  समावेश आसा. हे सर्वेक्षण 3D लेसर-आधारित NSV प्रणाली वापरून करतले जे खंयच्याच मानवी हस्तक्षेपा शिवाय

स्वयं/चलित/पणान रस्त्यातले दोष कॅप्चर करपाक आणि अहवाल दिवपाक सक्षम आसा.

जुगार 100

सेलिब्रिटींनी मान्यता दिल्या ऑनलाइन जुगाराक आळा बंद घालपाक सर्वोच्च न्यायालयान केंद्र सरकारची मदत मागल्या. ई स्पोर्ट्स वा सोशल गेम म्हणून चलपी ऑनलाइन जुगार आणि बेटिंग platformaar देशभरात बंदी घालपाची मागणी करपी जनहित याचिकेर सर्वोच्च न्यायालयान केंद्र सरकारची मदत मागल्या . याचिकेत आरोप केला की, क्रिकेटपटू आणि चित्रपट अभिनेते अशा बेकायदेशीर गेमींक मान्यता दितात ज्याका लागुन सायबर फटवणूक, व्यसन, मानसिक भलायकी विकार जातात. या याचिकेत रिझर्व्ह बँक ऑफ इंडिया, नॅशनल पेमेंट्स कॉर्पोरेशन ऑफ इंडिया आणि यूपीआय प्लॅटफॉर्मक नोंदणीकृत नाशिल्या गेमिंग अनुप्रयोगांकडे संबंधित खंयच्याय आर्थिक व्यवहारांक परवानगी नाकारपाचे निर्देश दिवपाची मागणी केल्या. तसेच कर वसुली आणि त्याबाबत चौकशी करपाची मागणीय केल्या.

हयो खबरो तुमी आकाशवाणी पणजी केंद्रवेल्यान आयकतात

आता मुखवेलयो खबरो

वेचणूक 40

भारतीय वेचणूक आयोगान आयोजित केल्या मुख्य वेचणूक अधिकाऱ्यांच्या दोन दिसांच्या परिषदेक काल नवी दिल्लीत इंडिया इंटरनॅशनल इन्स्टिट्यूट फॉर डेमोक्रसी अँड electoral मॅनेजमेंट हांगा सुरुवात झाली. मुख्य वेचणूक आयुक्त ज्ञानेश कुमारच्या अध्यक्षतेखाल जाल्या या परिषदेक, वेचणूक आयुक्त डॉ. सुखबीर सिंग संधू आणि डॉ. विवेक जोशी उपस्थित आशिल्ले

## मानवाधिकार 50

राष्ट्रीय मानवाधिकार आयोगान गुजरातचे मुख्य सचिव आणि डीजीपी हांका एका दिव्यांग आरटीआय कार्यकर्त्याच्या मरणाच्या खबरे वेल्यान नोटीस धाडल्या. गुजरातच्या थरड जिल्ह्यात त्याच्या निवासस्थाना-लागसारच्या भागातल्यान १२ तारखेक अपहरण केल्या उपरांत या महिन्याच्या १४ तारखेक पीडितेची कुड कालव्यात सापडल्याची खबर आसा. माध्यमांच्या वृत्ताची स्वतःहून दखल घेत, आयोगान दोन सप्तका भितर सविस्तर अहवाल मागयला

## मेहुल 65

अँटवर्पमधल्या बेल्जियमच्या न्यायालयान १३,५०० कोटी रुपयांच्या पंजाब नॅशनल बँकेच्या घोटाळया/प्रकरणी फरार उद्योगपती मेहुल चोक्सीक भारतात प्रत्यार्पण करपाक मान्यता दिल्या. बेल्जियमच्या अधिकाऱ्यांनी केल्या त्याच्या अटकेच्या कायदेशीर/तेक न्यायालयान मान्यता दिली, जी फरार ज्वेलर्सच्या भारताच्या फाटलागात एक महत्त्वाची प्रगती आसा. चोक्सीन न्यायालयात युक्तिवाद केलो की त्याचे अँटिग्वाच्यान अपहरण केल्ले आणि त्याका भारतात राजकीय छळ आणि अमानुष वागणुकीचो धोको आसा पुण  न्यायालयाक त्या दाव्यांक समर्थन दिवपी कसलेच  ठोस पुरावे सापडले ना

## भावू बीज 70

आयज भावू बीजीचो उत्सव मनयतात जो  दिवाळे उपरांत येता आनी पांच दिसांच्या उत्सवाचो शेवट जाता. हि परब देशांतल्या वेगवेगळ्या वाठारांनी भाऊफोटा, भाऊबीज, भाऊ टीका किंवा यम द्वितीय अशा वेगवेगळ्या नांवांनी वळखतात. भाव-भयणीं मदलो सासणाचो मोग, राखण आनी आशीर्वाद हांचें ही प्रतीक. ह्या शुभ दिसा, भयणी आपल्या भावांच्या कपलाचेर तिळक लावून  तांची सुरक्षीतताय

आनी दीर्घायुष्याची प्रार्थना करतात. ताचे बदला भाव आपल्या भयणींची राखण आनी जतनाय  घेवपाचें उतर दितात.

केदारनाथ 60

उत्तराखंडांत भैया/दुजाच्या निमतान संवसारीक नामनेचे श्री केदारनाथ आनी श्री यमुनोत्री-धाम आयच्यान शियाळी हंगामा खातीर भक्तां खातीर बंद उरतले.श्री केदारनाथ देवळाची दारा आयज सकाळीं 8:30 वरांचेर वैदिक जप आनी धर्मीक विधी करून बंद जाली . आयज फातोडेर 4 वरांचेर समारोप सुवाळो सुरू जालो. दारा  बंद जाले उपरांत बाबा केदाराची पंचमुखी उत्सवाची मूर्त देवळातल्यान उखी/मठांतल्या ओंका/रेश्वर देवळांत शियाळी दिसांनी रावपाक वतली.

गुंड 70

दिल्लींत आयज सकाळीं रोहिणी वाठारांतल्या बहादुर शाह मार्गाचेर दिल्ली पुलीस गुन्यांव शाखा आनी बिहार पुलिसांच्या संयुक्त पंगडा कडेन जाल्ल्या चकमकींत बिहारांतल्या चार वांटेड गुन्यांवकारांक मरण आयलें. गोळीबार जाले उपरांत गुंड रंजन पाठक, बिमलेश महतो, मनीष पाठक आनी अमन ठाकुर हांकां रोहिणींतल्या डॉ बाबासाहेब आंबेडकर हॉस्पिटलांत व्हेले. थंय तांकां मरण आयिल्ल्याचें जाहीर केलें. सगल्या गुंडांचेर गंभीर गुन्यांवांचे आरोप आशिल्ले आनी तांकां पुलिस अटक करपाचे असताना  पुलिसांनी केल्ल्या प्रत्युत्तर  कारवायेंत ह्या  गुंडांक मारले.

वेदर   55

भारतीय हवामान खात्यान आयज आंध्र प्रदेश आनी कर्नाटकांत व्हड ते सामको दडकानी  पावस पडपाचो अदमास काडला. तशेंच अंदमान आनी निकोबार जुंव्यांचेर केरळ, माहे, कोंकण आनी गोंयांत व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास दिला . महाराष्ट्र, कर्नाटक, तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकलांत दीसभर अशीच परिस्थिती

उरतली. लक्षद्वीप, ओडिशा आनी तेलंगणा हांगाय गडगड आनी वीजें सयत पावस पडपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या.

Sports 55

काल Bahrainआतल्या ईसा स्पोर्ट्स सिटी हॉलांत जाल्ल्या तिसऱ्या आशियाई युवा कबडडी खेळां सर्तीच्या चल्यांच्या गट अ मॅचींत भारतान यजमान बहरीनाचेर chavryayshi आड 40 अशी हार घाली. इशांत राठीच्या फुडारपणा खाला भारतीय पंगडान सलग पांचवे मॅचींत जैत मेळोवन जैताचो क्रम चालू दवरलो. हाचे वांगडाच भारतान गुण/तालिकेत आघाडी घेतल्या आनी निमाणे मॅचींत सुवात निश्चित केल्या. आतां तांचें लक्ष भांगरा पदक जिखपाचेर आसतलें.

आता खबरो सोपोवचे पायली परत एक फावट काय मुखेल खबरो

१ आज सावन संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग जयसलमेराक तीन दिसांच्या भेटीर वतात

२ विधानसभा वेंचणुकेच्या पयल्या टप्प्या खातीर बिहारांत वेंचणुकेच्या प्रचाराक गती आयल्या.

3 आयज भावू बीजीचो उत्सव मनयतात जो दिवाळे उपरांत येता आनी पांच दिसांच्या उत्सवाचो शेवट जाता

4 तिसऱ्या आशियाई युवा कबडडी खेळां सर्तीच्या चल्यांच्या गट अ मॅचींत भारतान यजमान बहरीनाचेर chavryayshi aad 40 अशी हार घाली